Date :12/05 /2025

प्रादेशिक खबरो

7.20 पीp m

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज रातचे 8 वरांचेर राष्ट्राक उद्देशून उलोवप करतले . पहलगामांत जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्या उपरांत भारतान सुरू केल्ल्या ऑपरेशन सिन्दूराचे फाटभूयेर ते उलोवप करतले . ऑपरेशन सिन्दूरात 25 भारतीय आनी एक नेपाळी नागरिकाक मरण आयलें. ह्या कारवायेत भारतान पाकिस्तानांतले जायते आतंकवाद आनी लश्करी तळ नश्ट करून शंबारा वायर आतंकवाद्यांक मारले.

गौयांत वेगवेगळया धर्माचे लोक एकांय रातताता अशें सांगून मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी गांयांत एकवटाच्या महत्वाचेर भर दिला. गोयच्या सुरक्षे खातीर हो एकवट खूब म्हतवाचो आसा अशें ताणी सांगाले. ऑपरेशन सिंदूर चें जैत हैं प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या कफुडारपणाखाला देशाचे वाडटे शक्तीची एक बरी देख आसा अशें

मुखेलमंत्र्यानी मुखर म्हळा . गोंयांत वेगवेगळया धर्माचे लोक एकवटान रावतान तेचपरी देसाचे शिमेर रावून देवाची राखण करपी जवाना खातीर तिरंग्याचे मिरवणूकीत वाटेकार जातात हातंतल्यान गोंयच्या लोकांचो एकवट दिसून येता हाचेर मुखेल मंत्र्यानी आपल्या उलोवपांतलान उजवाड घालो.

गोंयात वीज निर्मीतीखातीर nuclear plant उबारपाचो प्रस्ताव राज्य सरकारान union housing , power and urban affairs minister मनोहरलाल खट्टरकडे दवरला.हे शीवाय 652 कोटी रूपया हर घर जल येवजण चालीक लावपाक दीतले. हे शिवाय स्वच्छ भारत येवजणेखातीर राज्य सरकाराक 113 कोटी रूपया दीतले अशी म्हायती मनोहर लाल खट्टर हांणी दील्या. जाल्यारा मडगांव 20 mld STP plant ,साखळी 3 mld ,जाल्यार फोण्या 8 mld stp plant केंद्र सरकाराची अर्थिक मजत दीतले अशी म्हायती मनोहरलाल खट्टर हांणी दील्या.ते आयज गोयात आयील्ले. ह्यावेळार तिंणी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत,शार उदरगत मंत्री विश्वजीत राणे,खासदार श्रीपिद नायक, वीज मंत्री सुदीन ढवळीकार हांच्या सयत तिंणी पर्वरे मंत्रालयात संबंधीत खात्यिवीशी राज्याची सध्यस्थीती आनीृ मागण्यिवीशी खासा बसका घेवन नियाळ घेतलो.

राज्यातल्या दीव्यांग व्यक्तीचे सर्वेक्षण गोय दीव्यांग आयोगावतीन करतले अशी म्हायती समाज कल्याण खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दील्या.तशेंच ADIP येवजणेचो लाव दीवपाखातीर 20 मे ते 2 जुन ह्या काळात तालुका पांवड्याचेर खासा शीबीरा घेवन पात्र दीव्यांग व्यक्तींक ह्या येवजणेचो लाव मेळोवन दीतले. ही शीबीरा पंचायत तशेंच नगरपालीकेच्या सभाघरांनी जातली. दिव्यांग व्यक्तींखातीर आशील्या येवजणेचो लाव ह्या पात्र उमेदवारांक मेळचो म्हण नव्यान करपी सर्वेक्षण महत्वाचे थारतले अशी म्हायती ह्यावेळार सुभाश फळदेसाय हांणी दील्या. सध्या 2011 च्या जनगणने प्रमाण दीव्यांग व्यक्तींक फकत 7 तर्हेच्या दीव्यांग पणाच्या श्रेणी खातीर येवजण्यो आशील्ल्यो.मात आताच्या बदलाप्रमाण 21 तर्हेच्या दीव्यांग श्रेणीखातीर सरकाराच्यो येवजण्यो उपलब्ध आसि अशी म्हायती मंत्री फळदेसाय हांणी ह्यावेळार दील्या.

गोंयचे राज्यपाल पी यस श्रीधरन पिल्ल ई कुशी कल्याण यात्रा कार्यावळी खाता फाल्यां सावन म्हळयार १३ मे २०२५ सावन द.गोंयची भोंवडी करतले.द.गोंयचे संबंदीत भोंवडेर तें देवळां,ईगर्जी,दर्गा आनी गुरूद्वारांक भेट दिवपाचें आसात.राज्यपाल हें १३ मे दिसा सकाळीं सावयवेरेंच्या अनंत देवस्थानांत वचून देवाचें दर्शन घेतले उपरांत म्हाड्डोळच्या म्हाळसा देवी आनी नागेशिच्या नागेश देवाचें दर्शन घेतले.सांजवेळा राज्यपाल राशोल सेमिनारी तशेंच फातर्पेच्या श्री शांतादुर्गा कुंकळकान आनी शांतादर्गा फातर्पेकान आनी सप्तकोटेश्वराच्या देवळांत वचून देवाचें दर्शन घेतलें

आयज सावन सुरु जाल्ल्या संवसारीक रस्तो सुरक्षा सप्तकाच्या निमतान आयज गोवा कॅन या संघटनेन मडगांवां येरादार जागृताय मोहीम राबयली. ह्या मोहिमेत मडगांवचे येरादार पोलीस आनी मडगाव पालिका कर्मचारी हांचा े आस्पाव आशिल्लो. ह्या वेळार फुटपाथ आडावन माल विकपी वेपाऱ्यांक समजीकाय दिली. हे अतिक्रमण बेगोबेग काडून उडोवचे नाजाल्यार कारवाय जातली अशीय शिटकावणी ह्या वेळार दिली.

हे मोहिमेत गोवा कॅनच्यो लॉर्ना फर्नांडीस, मडगांव येरादारी पुलीस निरिक्षक संजय दळवी, येरादारी पुलीस आनी नगरपालिका कर्मचारी हाजीर आशिल्ले. ही मोहीम राज्यांतल्या हेर शारांनीय चालीक लायतले अशें सांगून फर्नांडिस हांणी मंगळारा पणजेंत अशीच मोहीम चालीक लावपाची म्हायती दिली. अंदूच्या सुरक्षा सप्तकाची पायान चलपी वाटसरु आनी सायकल चलोवपी हांची सुरक्षा ही मोख आसा अशी म्हायती हांणी दिली.

इतले मजगती सुरक्षा जागृताय मोहिमेयो एक नोटो म्हण गोंय येरादारी खातें आनी कोवा केन संधणेन मणजे तला वेवसाय धनमांची भेट घेरून पणजे शासनले फुटपाथ तराम चन्न वयपाच्यो सुवानो रित्यो करपाक सांगपाची मोहिम सुरु केला. हे मोहिम संबेदान दबतंकारीक म्हायती दिनका मेरराती खालाच्या अधिका-यानी ही मोहीम एक सप्तकमर चाल उरतली अझै सांगावें. हे मोहिमेखाला जे

कायदयाआड वनले नांचेट दंडाची कारवाय करनाले अथै सोगार्ने, हे वेबर गोवा कॅन संघाणेचे रोलांड मार्टीन्स अणीय उलोवप केलें.

दिवचल मालातल्या शिरगाव हांगसरल्या श्री लयराई देवीच्या जात्रेंत अनु जाल्ले चेंगराचेंगरीत स जणांच्या मरणाच्या पाठभूंयेर हाचेमुखार शिरगाव लयराई देवस्थान समिती जात्रेत येवपी धोणांक ओळखपत्र दितले आनि त्याचे वरवीं यात्रेचेर नियंत्रण दवरपाखातीर खास योजना आसतले अशी माहिती देवस्थानचे अध्यक्ष दीनानाथ गावकर हाणि दिल्या .काल पत्रकारांकडे उलयताना देवस्थानचे अध्यक्ष श्री दीनानाथ गावकर हाणीं पत्रकारांक सांगलें की 2 मे दीस शिरगावच्या लयराई देवीच्या जात्रेत काय जणांच्या चुकीक लागून 6 भाविकांक मरण आयले .ते परत घडपाक जायना म्हणून लयराई देवस्थान समितीन धोणांक मार्गदर्शन कर्तले अशे सांगले. शिवाय सहभागी जावपी धोरणांक आम्ही ओळखपत्रांचे वितरण कर्तले जेणेकरून जात्रेक येवपी धोणांची निश्चित संख्या आमका मेळटली.

जाण 115

२०२४-२५ शिक्षणीक वर्सा माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शाळा पांवड्यार ३५ प्रकारच्यो खेळां सर्ती आयोजीत केल्ल्याची म्हायती खेळां आनी तरणाटे वेव्हार खात्याचे संयुक्त सचीव अरविंद खुटकार हांणी एका परीपत्रकावरवी दिल्या. ह्या वर्साच्यो म्हळयार २०२५-२६ वर्साच्यो शाळा सर्ती यशस्वी करपा खातीर सगल्या माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शाळांच्या खेळपाक इत्सुक विद्यार्थ्यांची म्हायती दरेके शाळेन खेळां संचालनालयाक दिवंची अशे तांणी मांगला. १४ , १७ आनी १९ वर्सां सकयल्या चले-चलयांखातीर ह्यो सर्त आयोजीत करतात.ह्यो सर्ती तालुका, जिल्लो आनी राज्य पांवड्यार पोंवप, धांवप, धनुर्विद्या, रायफल शूटिंग, बुध्दिबळ, जिमनास्टीक, स्केटींग आनी योग अशा वेगवेगळ्या विशयांत जातात. २०२५-२६ शिक्षणीक वर्सा खातीर मिनी माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक खेळां सर्ती घडोवन हाडपाक सगळ्या मुख्याध्यापकांनी आनी प्राचार्यांनी सहकार्य करचें अशें आवाहन खेळां आनी तरणाटे वेव्हार खात्यान केलां.

भारतीय हवामान खात्यान उक्तायल्या अदमासा प्रमाण फावोश्या वातावरणाक लागून मान्सून केरळांत २७ जून मेरेन पावतलो.मान्सुनाक केरळांतल्या न गोंयांत पावपाक ४ते५दीस लागतात.हाकालागून मान्सून केरळांत पावपाचो अदमास खरो थारलो जाल्यार तो गोंयांत १ते२ जुन मेरेन पावपाक शकता.पोरूं गोंयांत ४जुनाक मान्सून पाविल्लो.ईतले मजगतीं हवामान खात्यान दिल्ल्यान म्हायती प्रमाण पणजेंत चडांत चड तापमान ३५अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान२७ अंश सेल्सियस नोंद जालां.फुडले स दीस गोंयांतलें चडांत चड तापमान ३५अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणें तापमान २७ अंश सेल्सियस मेरेन आसपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.ह्या काळांत चडांत

चड तापमानांत व्हडलो बदल जावपाची शक्यताय ना अशें खात्यान स्पश्ट केलां.गोंयांत १२ तें १४ मे मेरेन वार्याचो वेग वराक ४५ तें ५५ किलोमीटर मेरेन पावपाची शक्यताय आसा.हे खातीर नुस्तेंमार्यानी दर्यांत वचचें न्हय अशें खात्यान कळयलां.गोंयांत १ मार्च ते १० मे मेरेन सरासरी १३.६मिलीमीटर पावसाची नोंद जाल्या.

साखळी पालिका वठारात पावसा आधीच्या कामाक साखळी पालिकेतर्फे नेटान सुरुवात केली आसा. दर वर्सा साखळेच्या वाळवंटी नदीक येवपी हुंवाराक लागून  साखळी बाजार वाठारातल्या सकयल्या भागातल्या प्रश्नांक लागून येवपी हुंवार सदृश्य परिस्थिती नियंत्रणात हाडपाक पालिकेत पूर प्रतिबंधक योजना तशेच पावसा आदीचीं कामां करपाक सुरुवात केल्या. या कामात पालिकावाठारातली  गटारां उसपप, चिखल साचून हुंवर परिस्थितीत भरपट्टा ते व्हाळ मशीनच्या माध्यमातून साफ करून घेवप तसेच पालिका वाटारात अशील्यो  बायों साफ करप,  येरादरीक आडमेळीं हाडपी झाडां कट करप अशी वेगवेगळी कामा करपाक सुरुवात झाल्या. सध्या साखळच्या पालिका मैदाना लागसर आशिल्या वाळाची साफसफाई करपाक सुरुवात झाल्या कारण दर वर्षा याच वाळातलो  चिखल आणि हेअर घाण हाका लागुन साखळी पालिका मैदान तसेच  कदंबा बस स्थानक वाटर पावसाच्या दिसांनी उदक तुंबून रविल्यान पुर सदृश्य स्थिती निर्माण जाता .अंदु साखळे पालिकेतर्फे पावसा आधीची सगळीं कामा  पुराय जावपाक पावल्या अशी माहिती  नगरपालिकेची नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू हाणी दिल्या.

इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपल्या आकाशवाणी पणजीचे  मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी सात जावण 25 मिंनटाचेर नमस्कार